# <u>हर घर तिरंगा मोहीम</u>

## *लोकांक तिरंग्यावांगडा सेल्फी काडपाचो उलो*

ता. 9 ऑगस्ट 2023

आझादी का अमृत महोत्सवानिमतान केंद्र आनी राज्य सरकारान फाटल्या वर्सा प्रमाण ह्या वर्साय 13 ते 15 ऑगस्ट 2023 ह्या काळात घराघरांनी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवपाचो लोकांक उलो मारला.

सर्वसामान्य लोकांमदी देशभक्तीची भावना जागृत करप आनी तांकां आझादी का अमृत महोत्सवात सहभागी करून घेवप हो ह्या उपक्रमाचो उद्देश आसा.

फाटल्या वर्सा "हर घर तिरंगा" मोहिमेक भरपूर प्रतिसाद मेळ्ळो. सुमार 23 कोटी कुटुंबांनी आपल्या घरात तिरंगो हुबयलो आनी 6 कोटी लोकांनी हर घर तिरंगा वेबसायटीचेर सेल्फी अपलोड केल्यो. लोकांनी www.harghartiranga.com ह्या वेबसायटीचेर तिरंग्यासयत सेल्फी अपलोड करची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/628

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.